Regional News : 7.20pm

CM Republic Day Wishes - DIP

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक 76 व्या भारतीय प्रजासत्ताक दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या आनी देशाच्या स्वातंत्र्या खातीर बलिदान दिल्ल्या म्हान फुडाऱ्यांक आर्गां ओपल्यात.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, प्रजासत्ताक दीस देशांत सगळीं कडेन व्हडा देशभक्तिच्या भावनेन मनयतात. 26 जानेवारी 1950 दिसा संविधान सभाघरान भारतीय संविधानाचो स्विकार केलो. संवसारांतल्या व्हड लोकशाय देशाचे नागरिक म्हूण आमी आमच्या आदर्श संविधानाचो सदाच आदर करतात. संविधान हो आमचो अभिमान आनी संविधान आमकां राष्ट्र उभारणीच्या आमच्या प्रत्नांक मार्गदर्शन करता देखून संविधानाप्रती आमची समर्पित भावना आसप म्हत्वाचे.

ह्या इतिहासीक दिसा आमी घटनेच्या शिल्पकारांचो उगडास करपाक जाय, जांणी आमच्या देशाक उदरगतीच्या उचेल्या तेंगशेंर पावयलो. आमी राज्याचो विकास करतना सैम आनी संस्कृतीचोय सांबाळ करपाक जाय. आमच्या सोबित राज्याच्या उदरगती खातीर आमी सगळ्यांनी एकवटान योगदान दिवपाक वावर करूया. ह्या म्हत्वाच्या दिसा आमी आमच्या संविधानातल्या आदर्शांप्रतीची आमची कटीबद्दता आनीक मजबूत करूया. आमच्या देशाचे सार्वभौमत्व, धर्मनिरपेक्षताय आनी लोकशाय तत्वां सांबाळून विकसीत आनी भरभराटीचे राष्ट्र करपाक कटीबद्द जावया.

Kabir Sukhija - Rashmi

गोंयच्या पर्यटन मळाक घटमुट करपाखातीर ह्या केद्रीय अर्थसंकल्पाकडल्यान अपेक्षा आसात.खास करून रस्तो आनी विमानतळांचेर बरी साधन सुविधा तशेंच आनीकबरी जोडणी आसप गरजेचे आसा. अशे मत travel and tourism association of goa चे अध्यक्ष कबीर सुखिजा हांणी व्यक्त केला.कोव्हीडाउपरांत आंतरराश्टीय पर्यटकांचे गोयात येवपाचे प्रमाण देवला,हाचेखातीर सरकारान गांर्भीयान लक्ष घालप गरजेचे आनी हे सगळे करपाक राज्य सरकाराच्या पर्यटन खात्याक लागपी नीधीची तरतुद केंद्रीय अर्थसंकल्पात आसचे अशी प्रतीक्रीया सुखीजा हांणी दील्या.

National Tourism Day - 100

आयज राश्टीय पर्यटन दीस. ह्या दीसाच्या फांटभुयेर आयज पणजे करंजाळे दर्यादेगेचेर दिल्ली राज्यसभा सचीवालयाचे 19 ज्येश्ठ अधिकारी तशेंच national institute of water sports .विद्यार्थी अशे वट्ट 50 मनशांनी दर्यादेग नितळसाणीचो उपक्रम आयोजीत केल्लो.सकाळी 9 ते 10 एका वरात तांणी सुमार 40 कील कोयर एकठाय करून ताचो विल्हो लावपाकह्यावेळार तांणी धाडलो. ह्या कोयरात प्लास्टीकच्यो बाटल्यो, पिशव्यो, चिप्साची रीती पाकीटा, तशेंच हेर कोयराचो आसपाव आसा. गोंय हे सोबित सैमान नटील्ले पर्यटन थंळ, ह्या पर्यटनाची उदरगत

जातना ती शाश्वत पद्धतीन जावची, गोंय नितळ उरचे, गोयांत येवपी पर्यटकांनी पर्यटन थळांचेर कोयर उडोवचो न्ही अशे ह्यावेळार उपक्रमाचे समन्वयक पवन गुप्ता हांणी म्हणला.

नित्ती आयोगाचो अहवाल -

निती आयोगाच्या अर्थीक थिरताय निर्देशांकात गोंय तिसरया सूवातेर आसा, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिल्या. निती आयोगान हालींच जाहीर केल्ल्या अहवाला प्रमाण गोंयची अर्थीक भलायकी बरी आसा. आयोगान पयलेच खेपे राज्यांचो अर्थीक स्थिरताय निर्देशांक (एफएचआय) जाहीर केला. हे क्रमवारींत गोंय 53.6 गूणां सयत तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा. पयल्या क्रमांकाचेर ओडिशा (67.8 गूण) आनी दुसरे सुवातेर छत्तीसगड (55.2 गूण) आसा. हो निर्देशांक 2014 -15 ते 2022 - 23 ह्या अर्थीक वर्साच्या महालेखा परीक्षण (कॅग) अहवालाचेर आदारुन तयार केला.

युवा महोत्सव -

कोंकणी भाषा मंडळ, राजभाषा संचालनालय गोंय, युवा जैतीवंत दिवचल आनी नारायण झांटये कॉलेज दिवचल हांच्या जोडपालवान 25 आनी 26 जानेवारी 2025 अशे दोन दीस चलपी युवा महोत्सवाचे उक्तावण जालें. आदर्श समाज घडोवपाखातिर तरणाट्यांची युवाशक्त महत्त्वाची आसता . सकारात्मक काम करून तरणाट्यानी राष्ट्रनिर्माणेत महत्त्वाची भूमिका

निबोवपाची गरज आसा .मानाचे सोयरे आमदार चंद्रकांत शेट्ये आणि सांगले की 2009 व त दिवचले जाल्लो युवा महोत्सव खूप गाजिलो .त्या उपरांत या वर्सा जावपी युवा महोत्सव जैतीवंत करपा खातिर सगळ्यांनी सहकार्य करपाची गरज आसा. फाल्या आयतार 26 जानेवारी दिसा सांजवेळा युवा महोत्सवाची सांगता जातली.

Budget IT

केंद्रीय अर्थसंकल्पातल्यान IT मळाक उर्बा दीवपाक नीधीची तरतुद आसप महत्वाचे आसा. आयज भलायकी, पर्यटन, हाॅटेल वेवसाय, ह्या सगळ्या मळाक digital मळाचो तेको लागता, ताका लागुन सरकारान IT based कंपनी, start-ups, हांका उर्बा दीवपाक जाय. ह्या मळार लागपी मनीसबळ तयार करपाच्या दीखेन काम जावपाक जाय अशी प्रतीक्रीया असोचेम संघटनेचे IT विभागाचे अध्यक्ष मांगीरीश सालेलकार हांणी दील्या.

Govind Gawde

गोंयच्या खेळगड्यांक गोय सरकार सदाच उर्बा दीता,मात ह्या खेळगड्यांनी तांच्या खेळातल्यान स्वतचे तशेच गोंयाचे नाव काडपागरजेचे अशे खेळामंत्री गोविंद गावडे हांणी म्हणला. खेळा खात्यान वशीलेबाजीन

न्ही जाल्यार प्रशीक्षीत कुशळ प्रशीक्षकाचीच निवड जातली अशे मंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

28 जानेवारी ते 10 फेब्रुवारी ह्या काळात उत्तराखंण्ड हांगा जावपी 38 व्या राश्टीय खेळा सर्तीत गोयचे 29 खेळगडी वाटेकार जातले. ह्या खेळगड्यांक कीट वाटपाचे तशेच तांका गोंयासांवन उत्तरांखण्ड वचपाक समारोप  दीवपाची कार्यावळ आयज पणजे जाली.

National Voters Day -

भारतीय वेचणुक आयोगाच्या स्थापणूक दिसा निमतान पुराय राज्यात आयज राश्ट्रीय मतदार दीस मनयलों. मांद्रे मतदारसंघात त्या नीमतान खासा कर्यावल जाली. मतदार दिसाची शपथ घेवन ह्या दिसाची सूरवात जाली. मांद्रे मतदार संघाचे अधिकारी,सहाय्यक वेचणुक अधिकारी आणि वेच्णुक आयोगाच्या वांगड्यानी ते निमतान तरेकवार सर्ती घडोवन हाडल्यो.तसेच पदयात्रा लेगीत आयोजित केली. हरमलच्या गणपत पार्सेकर विद्यालय तसेच हरमल पंचक्रोशी संकुलान ही कर्यावळ जाली. ज्येष्ठ शिक्षिका श्यामला नायक रेडकर मुखेल सोयऱ्यो म्हण हजर आशिल्ल्यो तसेच, वेचनुक कार्यालयाचे अधिकारी अविनाश म्हापणकर आणि हेर मनेस्त उपस्थित आशिल्ले. मंद्रे मतदासंघांतले नोडल अधिकारी, क्षेत्र अधिकारी, काय येरादरी अधिकाऱ्यांचो भोवमान केलो.